राष्ट्रीय खबरो 30.१२.२०२५ @ 8.४० AM

मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नीती आयोगांत मुखेल अर्थशास्त्रज्ञ आनी विशय तज्ञां वांगडा बसका घेतले.
- दूरसंचार खातें परिवर्तनकारी सुदारणां चालीक लायता अशें केंद्रीय दूरसंचार मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया हांणी जाहीर केलां
- केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह काल सांजवेळार संघटनात्मक बसका आनी कार्यावळींच्या माळेक हाजीर रावपा खातीर अस्तंत बंगालात पावले
- बायलांच्या क्रिकेटांत आयज पांचवे आनी निमाणे टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅचींत भारतीय पंगड श्रीलंका आड खेळटलो

नीती

मुखेल अर्थीक निर्णयां आदी सरकाराच्या सल्लागार प्रक्रियेचो एक भाग म्हूण प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नीती आयोगांत मुखेल अर्थशास्त्रज्ञ आनी विशय तज्ञां वांगडा बसका घेतले. अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांचोय आस्पाव जावपी हे चर्चेंत अर्थीक

प्रस्नांचेर भर दिवपाची शक्यताय आसा. देशाची सध्याची परिस्थिती आनी फुडाराच्या प्राधान्यांचेर तज्ञांनी आपले विचार आनी मुल्यांकन मांडपा खातीर ही बसका एक माची  म्हूण काम करपाची शक्यताय आसा.

येवपी केंद्रीय अर्थसंकल्पा विशीं अर्थशास्त्रज्ञांनी सूचना आणि दृष्टिकोन दिवपाची अपेक्षा आसा. वाडीक चालना  दिवपाक , स्थूल अर्थीक स्थिरताय घटमूट करपाक आनी उदेपी  आव्हानांक फुडो करपाक फुडली सुदारणा करपाची गरज आसूं येता अशा हेर विषयाचेर   चर्चा जावपाची शक्यताय आसा. देशांतर्गत आणि जागतिक, दोनिय आर्थिक दृष्टिकोन ह्या चर्चांनी मुखेल विशय आसतलो अशी अपेक्षा आसा.

इकोनोमी

अर्नस्ट अँड यंग (ईवाय) च्या अहवाला प्रमाण भारत दोन हजार सत्तावीस ते दोन हजार ATTHECHALIS मेरेन सव्वीस  ट्रिलियन डॉलर्सची अर्थवेवस्था जावपाचो  आसा आनी दर मनशाक 15 हजार डॉलर्स परस चड येणावळ मेळटली, जी सद्याच्या पांवड्या परस सुमार स पटींनी चड आसा. मुखेल विकास-सहाय्यक घटकांक

लागून फुडल्या दशकांत आनी ताचे उपरांत संवसारीक अर्थवेवस्थेंत आपली सुवात घटमूट करपा खातीर भारता खातीर  एक आगळीच स्थिती निर्माण जाल्या अशें अहवालांत म्हणलां. 2030 मेरेन भारत जर्मनी आनी जपानाक फाटीं घालून चीन आनी अमेरिके उपरांत संवसारांतली तिसरी व्हड अर्थवेवस्था जावपाची अपेक्षा आसा. संवसारांतली पांचवी व्हड अर्थवेवस्था म्हूण भारतान पयलींच म्हत्वपूर्ण सुवात मेळयल्या , हाचे श्रेय व्हडा  प्रमाणात त्याच्या आर्थिक उदारी/करण धोरणांक  वता , जाका लागून  अर्थव्यवस्था अधिक बाजार-केंद्रित झाली, खाजगी भांडवलाची भूमिका विस्तारली आणि जागतिक स्पर्धात्मकता वाढली. आगामी दशकांनि  प्रमुख जागतिक अर्थव्यवस्थांमदि   भारताच्या विकासाचो   अंदाज सर्वाधिक आसा अशें अहवालांत म्हणला

मोदी

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी  राज्यांक उत्पादनांक प्रोत्साहन दिवपाचे, व्यवसाय सुलभतेक चालना दिवपाचे आणि भारताक जागतिक सेवा क्षेत्रातलो दिग्गज करपाचे आवाहन केला. भारत रोखडोच राष्ट्रीय उत्पादन अभियान (nmm) सुरू करतलो आणि प्रत्येक राज्यान ताका सर्वोच्च प्राधान्य दिवुंक जाय, जागतिक

कंपन्यांक आकर्षित करपाक मुळाव्यो सुविधा निर्माण करूंक जाय अशे ताणी म्हणला. प्रधानमंत्री मोदी हांणी स्वदेशी उत्पादना लोक आता खरेदी करतात आणि तांचे मदी हे विशी उमेद आसा अशे सांगले

मन कि बात हो अशा लोकाक मुखार हाडपाचो एक यत्न आसा जे फक्त पारंपारिक कलाक मुखार व्हरपि न्हय तर थळाव्या लोकाचे सक्षमी करणय करता. हे विशी ताणी मणिपूर राज्याची देख दिली

हयो खबरो तुमो आकाशवाणीच्या पणजी केंद्रवेल्यान आयकतात

आता मुखवेलयो खबरो

सिंधिया 1

दूरसंचार सुरक्षा घटमूट करपा खातीर, अनुपालनाचो भार उणो करपा खातीर आनी प्रधान मंत्र्यांच्या ‘मेक इन इंडिया, मेक फॉर द वर्ल्ड’ द्रीष्टीकोन घटमूट करपा खातीर दूरसंचार खातें परिवर्तनकारी सुदारणां चालीक लायता अशें केंद्रीय दूरसंचार मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया हांणी जाहीर केलां. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत ताणी ह्या मुखेल सुदारणां मदीं मूळ उपकरण उत्पादकां खातीर (oem) अंतरीम सुरक्षा प्रमाणीकरण सुरक्षा

प्रमाणन योजनेक  २ वर्षांची मुदतवाढ आनी दूरसंचार सुरक्षा चांचणी प्रयोगशाळां खातीर शुल्क उणें करप हांचो आस्पाव आसा अशें अधोरेखित  केलां. दूरसंचार सुरक्षा घटमूट करप, अनु पालन भार उणो करप आनी उद्देगाची शाश्वत वाढीक  चालना दिव्पाचो हेतू आसा अशें सिंधिया हांणी सांगलें. ह्या सुदारणांक लागून दूरसंचार उपकरणां तयार करपी कंपनीं खातीर वेवसाय करपाक सोंपें जावपाक म्हत्वाचो उर्बा मेळटली अशें तांणी सांगलें. हे परिवर्तनकारी पावलांनी आत्मनिर्भर भारताच्या देशाच्या सामायिक दृष्टिकोनाक मुखार व्हरता अशेंय ताणी सागले

शाह

केंद्रीय गृहमंत्री आनी भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी अमित शाह काल सांजवेळार संघटनात्मक बसका आनी कार्यावळींच्या माळेक हाजीर रावपा खातीर अस्तंत बंगालात पावले. दम दम विमानतळार भाजपाचे प्रदेश अध्यक्ष समिक भट्टाचार्य आनी विरोधी पक्ष फुडारी सुवेन्दु अधिकारी हांणी तांका  येवकार दिलो. हे भेटी वेळार गृहमंत्री आयज आनी फाल्यां राज्यांतल्या पक्ष पदाधि/काऱ्या   कडेन जायत्यो उंचेल्या पांवड्याच्यो बसका घेवन येवपी वेंचणुके खातीर

वेंचणूक रणनितीचेर चर्चा करतले. ताची पयली म्हत्वाची संघटनात्मक बसका आयज बिधान नगरांत जातली.

नायडू

केंद्रीय नागरी उड्डाण मंत्री किंजरापु राम मोहन नायडू बेंगळुरूत ध्रुव एनजी हेलिकॉप्टरच्या उक्तावण उड्डाणाक पाचवा बावटो दाखयतले. एडव्हान्स्ड लाइट हेलिकॉप्टर नेक्स्ट जनरेशन ध्रुव हे २०२५ च्या एअरो इंडिया शोत haln प्रदर्शित केल्या स्वदेशी हेलिकॉप्टरचे नागरी रूप. हे स ते १४ प्रवासी हेलिकॉप्टर पर्यटन, व्हीआयपी येरादारी, आपत्ती आणि हुंवार व्यवस्थापन आणि ऑफशोअर मोहिम यासारख्या नागरी भूमिका निभावपाक सक्षम आसा. हातुत स्वदेशी शक्ती इंजिन आणि नागरी प्रमाणपत्रा खातीर सुधारित वैशिष्ट्य आसात.

स्पोर्ट्स

बायलांच्या क्रिकेटांत आयज केरळांतल्या तिरुवनंतपुरम हांगाच्या ग्रीनफील्ड आंतरराष्ट्रीय स्टेडियमाचेर पांचवे आनी निमाणे टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅचींत भारतीय पंगड श्रीलंका आड खेळटलो. सांजवेळा 7 वरांचेर मॅच सुरू जातली. पांच मॅचींच्या मालिकेंत हरमनप्रीत

कौराच्या फुडारपणा खाला 4-0 अशी आघाडी घेतिल्लो भारतीय पंगड, मालिका क्लीन स्वीप करण्याच्या प्रयत्नात आसतलो. आयतारा जाल्ले निमाणे मॅचींत यजमान भारतान 222 धांवड्यांचे व्हड लक्ष्य येसस्वीपणान गाठून  सोयऱ्या पगडाचेर 30 धांवड्यांनी हार घाली. ताचे आदीं भारतान ह्या मालिकेच्यो पयलो तीन मॅचीत अष्टपैलू कामगिरी करत सहज जैत मेळयले आणि ह्या कामगिरीक लागून बायलांच्या टी-20 विश्वचषकाचे तयारेचो एक भाग म्हूण भारता खातीर ही मालिका म्हत्वाची आशिल्ली. तशेंच फुडल्या म्हयन्यांतल्यान सुरू जावपी बायलां प्रिमियर लीगा खातीर तांकां आपली कुशळटाय वाडोवपाक एक माची मेळली .

नेमबाजी

दिल्लीत डॉ. करणी सिंग रेंज हांगा जाल्या राष्ट्रीय नेमबाजी स्पर्धेत आशियाई अजिंक्यपद स्पर्धेतली भांगरापदक विजेती नीरू धांडा हाणे बायला ट्रॅपात भांगरा पदक पटकायले. दिल्लीच्या कीर्ती गुप्तान रुपया पदक जिंकले, तर नीरूची मध्य प्रदेशातली सहकारी प्रगती दुबे हाणे कांस्यपदक जिंकले. ज्युनियर दादल्यांच्या ट्रॅपात आर्यवंश त्यागीन भांगरा, केशव चौहानान रुपया आणि झुहैर खानान कांस्य पदक जिंकले.

वेदर

भारतिय  हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन सकाळ आनी रातच्या वेळार हरियाणा, चंडीगढ, अस्तंत उत्तर प्रदेश आनी पंजाबांत खूब दाट धुकें पडपाचो अदमास काडला. आयज जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, गिलगीत-बाल्तिस्तान, मुजफ्फराबाद आनी मध्य प्रदेशांत दाट धुकें पडपाचो अदमास काडला. दिल्ली, झारखंड आनी अरुणाचल प्रदेशांत फाल्यां मेरेन अशीच परिस्थिती उरपाची शक्यताय आसा. अशें हवामान खात्यान सांगलां.

आता खबरो सोपोवचे पायली परत एक फावट काय मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नीती आयोगांत मुखेल अर्थशास्त्रज्ञ आनी विशय तज्ञां वांगडा बसका घेतले.
- दूरसंचार खातें परिवर्तनकारी सुदारणां चालीक लायता अशें केंद्रीय दूरसंचार मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया हांणी जाहीर केलां
- केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह काल सांजवेळार संघटनात्मक बसका आनी कार्यावळींच्या माळेक हाजीर रावपा खातीर अस्तंत बंगालात पावले

- बायलांच्या क्रिकेटांत आयज पांचवे आनी निमाणे टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅचींत भारतीय पंगड श्रीलंका आड खेळटलो

**आणि इतल्यान हयो राष्ट्रीय खबरो सोपलयो आकाशवाणी पणजी केंद्राचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका aaykunk मेळतले सांजेच्या स वरा तीस mintaancher नमस्कार**